०७-११-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

बिहार विधानसभा वेचणूकेची मतमेजणी आयज; बिहारातल्या ३८ जिल्ह्यांमदल्या ४६ मतमेजणी केंद्रांचेर जाता ही मतमेजणी.

भारत-बांगलादेश शीमेचेर फेंसिंग घालपाच्या मुद्याचेर कोलकाता उच्च न्यायालयान अस्तंत बंगाल सरकारकडच्यान प्रतिज्ञापत्र मागयला.

नवी दिल्लीच्या भारत मंडपमात, आयज 44वो भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळा- आयआयटीएफ सुरू जाता.

छत्तीसगड आनी मध्य प्रदेशांत 16 नोव्हेंबर मेरेन कुडकुडयाच्या शियाची परिस्थिती उरतली अशें हवामान खात्यान सांगलां.

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदल्या दोन कस लावपी क्रिकेट खेळा माळेतलो पयलो खेळ आयज कोलकात्यातल्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर जातलो.

बिहार विधानसभा - ७०

बिहार विधानसभा वेचणूकेची मतमेजणी आयज सुरू जाल्या. बिहारातल्या ३८ जिल्हयांमदल्या ४६ मतमेजणी केंद्रांचेर ही मतमेजणी सुरु आसा. विधानसभेच्या २४३ मतदारसंघांखातीर ६ आनी ११ नोव्हेंबराक दोन पावंड्यार मतदान जाल्ले. ह्या वेचणूकेत बिहारात १९५१ उपरांत सगळ्यात चड ६७.१३ टक्के मतदान जाले. इलेक्ट्रॉनिक मतदान यंत्रे (ईव्हीएम), ज्यातूंत सगळे २ हजार ६१६ उमेदवारांचे वेचणूक निकाल सील केल्यात, तांका कडक सुरक्षेत स्ट्राँग रूमात दवरल्यात.सगळ्या मतमेजणी केंद्रांचेर कडक सुरक्षा वेवस्था दवरल्या अशें आकाशवाणीकडेन उलयताना बिहारचे मुखेल वेचणूक अधिकारी विनोद सिंग गुंजियाल हांणी सांगले.

भारत-बांगलादेश - ९०

भारत-बांगलादेश शीमेचेर फेंसिंग घालपाच्या मुद्याचेर कोलकाता उच्च न्यायालयान अस्तंत बंगाल सरकारकडच्यान प्रतिज्ञापत्र मागयला. न्यायालयात दाखल केल्ल्या जनहित याचिकेत बांगलादेश शीमेवेल्या मेकळ्या जागेत काटेरी तारांचे फेंसिंग बसोवपाची मागणी केल्या. अस्तंत बंगालात देशाच्या शिमेचो सुमार २,२१६ किलोमीटर भाग बांगलादेशबरोबर आसा. ह्या वाठारांत खूपश्या सूवातेर फेंसिंग नाशिल्ल्यान घुसखोरी आनी तस्करीच्यो घडणूको घडल्यात. अस्तंत बंगाल सरकार ह्या मुद्द्याचेर केंद्र सरकाराक सहकार्य करी ना आनी फेंसिंग घालपाखातीर जमीन संपादित करपाविशी गंभीर ना अशी म्हायती केंद्र सरकाराचे अतिरिक्त सॉलिसिटर जनरल अशोक चक्रवर्ती हांणी न्यायालयाक दिली. कोलकाता उच्च न्यायालयाच्या खंडपीठान राज्य सरकाराक १५ दिसांभीतर प्रतिज्ञापत्र दाखल करपाचे निर्देश दिल्यात.

IITF 2025 – 50

नवी दिल्लीच्या भारत मंडपमात, आयज 44वो भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळा-आयआयटीएफ सुरू जाता. वाणिज्य आनी उद्देग राज्यमंत्री जितीन प्रसाद

आंतरराष्ट्रीय मेळ्याचे उक्तावण करतले. ह्या वर्साच्या मेळ्याचो विशय आसा-

एक भारत श्रेष्ठ भारत. उत्तर प्रदेश, राजस्थान, महाराष्ट्र, आनी बिहार हीं आंतरराष्ट्रीय कार्यावळीचीं भागीदार राज्यां, जाल्यार झारखंड हें मुखेल राज्य आसा अशें आमच्या प्रति निधींन कळयलां.

Reddy Coal – 80

केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी हांच्या अध्यक्षतायेखाला

काल नवी दिल्लींत कोळसो क्षेत्रा विशी दीस भर चलपी नियाळ बसका जाली. हे बसकेंत रेड्डी हांणी भारताच्या उर्जा सुरक्षे खातीर मंत्रालय आनी

पीएसयूच्या यत्नांची तोखणाय केली. लक्ष केंद्रीत आनी समन्वयात्मक यत्नांतल्यान वाड तिगोवन दवरून, अंदू उत्पादनाची मोख पुराय जाता हाची खात्री करची असो उलो तांणी मारलो.

उत्पादन, फायदो, कामगारांचें कल्याण, आनी पर्यावरणीय कामगिरी हातूंत

उत्कृश्टताय हाडपा खातीर पीएसयू मर्दी निरोगी सर्त करची असो उलो

मंत्र्यांनी मारला.

उपराष्ट्रपती - दूरसंचार - ५०

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आयज नवी दिल्लीत विज्ञान भवनात भारतीय दूरसंचार सेवेच्या हीरक महोत्सवी सुवाळ्याक हाजीर रावतले. भारतीय दूरसंचार सेवेच्या ६० व्या वर्सा निमतान हे सुवाळे दूरसंचार क्षेत्राच्या उदरगतीत विभागाच्या योगदानाचेर उजवाड घालतात. भारतीय दूरसंचार सेवेची स्थापना १९६५त जाली. दूरसंचार-संबंधित क्षेत्रातल्या सरकाराच्या तांत्रिक आनी वेवस्थापकीय गरजो पूराय करप हो ताचो मुखेल हेत आसा.

पियुष गोयल - ९०

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पियुष गोयल हांणी काल नवी दिल्लीत नेपाळचे वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री अनिल कुमार सिन्हा हांची भेट घेतली. ह्या बसकेत भारत आनी नेपाळ मजगती संक्रमण कबलातीच्या मार्गदर्शक तत्वांमदी सुधारणा करपाखातीर आशयपत्रांचे दिवप घेवप जाले. हाकालागून जोगबनी-विराटनगर रेल्वे लिंकवरवी थेट रेल्वे जोडणी स्थापन जातली, अशें मंत्रालयाने म्हळे. ह्या उपक्रमाक लागून कोलकाता आनी विशाखापट्टणम बंदरांपासून नेपाळमेरेन येरादारी सुविधा बरी जातली. भारताच्या अनुदान सहाय्यान बांदिल्ल्या ह्या रेल्वे लिंकचे उक्तावण १ जून २०२३क भारत आनी नेपाळच्या प्रधानमंत्र्यांनी जोडपणान केल्ले. ह्या नव्या उपाययेवजण्यांक लागून दोनूंय देशांमदले आर्थिक आनी वेवसायिक संबंध आनीक घटमूट जातले, अशी आस्त आसा.

भारत - फिलिपिन्स - १००

अमेरिकेतल्या फिलीपिन्सचे राजदूत जोस मॅन्युएल डेल गॅलेगो रोमुआल्डेझ हांणी भारत-फिलीपिन्स हांच्या घटमूट भागीदारीची तोखणांय केल्या. तांणी भारताक फिलीपिन्सचो सगळ्यात लागीचो इश्ट आनी मुखेल संरक्षण भागीदारांपेकी एक, अशें म्हळा. वॉशिंग्टनातल्या एका कार्यावळीत ते उलयताले. जोस हांणी भारताकडच्यान ब्रह्मोस क्षेपणास्त्रांची खरेदी ही वाडत्या संरक्षण संबंधांचो पुरावो आसा अशें म्हळा. फिलीपिन्सान हालीच भारतावांगडा 375 दशलक्ष डॉलर मोलाच्या ब्रह्मोस क्षेपणास्त्रांखातीर कबलात केला, ताकालागून दक्षिण चीन दर्यादेगात तांची लष्करी क्षमता वाडटली.

जोस हांणी ऑगस्टात राष्ट्राध्यक्ष फर्डिनांड मार्कोस ज्युनियर हांच्या यसस्वी भारत भेटीची लेगीत नोंद घेतली. हे भेटीवेळार, फिलीपिन्सचे राश्ट्राध्यक्ष फर्डिनांड मार्कोस आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संरक्षण, दर्यादेग सुरक्षा, वेपार, अंतरीक्ष, पर्यटन आनी डिजिटल तंत्रगिज्ञान मळार सहकार्य वाडोवपाक मान्यताय दिल्ली.

VP Andhra – 85

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन, आज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापट्टणमांत जावपी 30 व्या भारतीय उद्देग संघटनेच्या भागीदारी शिखर सभा 2025 च्या

उक्तावण अधिवेशनांत वांटेकार जातले. उद्देग आनी अंतर्गत वेपार प्रसार खातें आनी आंध्र प्रदेश सरकाराच्या भागीदारींत सीआयआय हांणी दोन दिसांची ही शिखर परिशद घडोवन हाडल्या. ह्या शिखर सभेंत विचारवंत, धोरण निर्माते,

उद्देग फुडारी, आनी जागतीक भागीदार एकठांय येवन वेपार आनी गुंतवणूक हांच्या फुडाराक आकार दितले अशी अपेक्षा आसा. ह्या कार्यक्रमांत ४५ सत्रां आनी ७२ आंतरराष्ट्रीय वक्ते आसतले आनी ४५ देशांतले ३०० परकी भाग घेवप्या सयत २,५०० प्रतिनिधी आसतले.

Railway – 60

रेल्वे मंडळान सगल्या विभागीय रेल्वेक प्रवासाच्या वेळार कोयराचे योग्य

वेवस्थापन आनी विलो लावपा विशीं सविस्तर सुचोवण्यो जारी केल्यात. ह्या निर्देशाचो हेतू म्हळ्यार नितळसाण वाडोवप आनी प्रवाशांक चड आनंददायी प्रवास अनुभव सुनिश्चित करप अशी म्हायती रेल्वे मंत्रालयान दिल्या. झोनल रेल्वेन फ्रंटलायन कर्मचाऱ्यांक फावो तें प्रशिक्षण दिवचें आनी ह्यो जापसालदारक्यो प्रभावीपणान पाळपा खातीर सुसज्ज करचे अशें मंडळान निर्देश

दिल्यात.

IMD – 50

आज केरळ आनी माहेत काय वाठारानी खूब पावस पडटलो असो अदमास

हवामान खात्यान उक्तायला. छत्तीसगड आनी मध्य प्रदेशांत 16 नोव्हेंबर मेरेन कुडकुड याच्या शियाची परिस्थिती उरतली अशें खात्यान सांगलां. ईशान्य

भारतांतय हलके ते मध्यम धुकें पडपाचो अदमास आसा आनी उण्यांत उणें तापमान दोन ते तीन अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा.

Chess – 100

FIDE बुद्धिबळ विश्वचषक २०२५ सर्तींत प्रणव व्ही आनी कार्तिक वेंकटरमन भायर पड ल्या उपरांत, काल टायब्रेक खेळांत हारून आरआर. प्रज्ञानंदाचेय ह्या सर्तींतले आव्हान सोपले.   सर्तींतल्यान भायर सरपी तो 22वो भारतीय

खेळगडो.   मजगतीं, अर्जुन एरिगैसी आनी पेंटला हरिकृष्ण - दोगांयनी

आयज टायब्रेकांत जैत मेळोवन 5 व्या फेरयेंत आपली सुवात मेळयली. अर्जुन एरिगाई सीन हंगेरीच्या पीटर लेकोवर जैत मेळोवन पाचव्या फेरीत आपली

सुवात निश्चित केली. तर पेंटाला हरिकृष्णान स्वीडनच्या निल्स ग्रँडेलियसाक हारयलो. प्राग्नानंधा गेल्या उपरांत अर्जुन आनी हरिकृष्ण हे फकत दोन भारतीय ग्रॅण्डमास्टर ह्या खिताबा खातीर सर्तींत उरल्यात.

क्रिकेट - ७०

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदल्या दोन कस लावपी क्रिकेट खेळा माळेतलो पयलो खेळ आयज सकाळी कोलकात्यातल्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर जातलो. हो खेळ सकाळी ९:३०क सुरू जातलो. इंग्लंडात २ आड २ अशी बरोबरी आनी वेस्ट इंडिजआड २ आड ० अशें जैत मेळयल्या उपरांत भारत संवसारीक कस लावपी क्रमवारीत तिसऱ्या सूवातेर आसा. उपकर्णधार आनी यष्टिरक्षक ऋषभ पंतच्या पुनरागमनाक लागून भारताक बळगे मेळतले. दुसरो कस लावपी खेळ २२ नोव्हेंबरच्यान  गुवाहाटीत जातलो.